**उणाक दर्ज्याचे सांसवा तेल उत्पादक आनी विक्रेत्याक दंड**

ता. 2 डिसेंबर 2022

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या अन्न सुरक्षा अधिकाऱ्यानी केल्ल्या एका कारवायेच्या प्रकरणात अन्न सुरक्षा आनी मानक कायद्याखाला न्याय अधिकारी म्हूण उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान उणाक दर्ज्याचे सांसवा तेल उत्पादक आनी विक्रेत्याक दंड फर्मायिला. उत्पादकाक 5000/- रूपया जाल्यार विक्रेत्याक 2000/- रूपया दंड फारीक करपाचो आदेश दिला.

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्यो अन्न सुरक्षा अधिकारी सुजाता शेटगावकर हांणी मुस्लिमवाडो दिवचल हांगाच्या एका सुपर मार्केटाचेर धाड घालून केल्ल्या कारवायेत उणाक दर्ज्याचे सांसवा तेल (डालढा आनी प्रिया) जप्त करून तेलाच्या नमुन्यांची तपासणी केल्ली. ह्या तेलाचे उत्पादक मे.भवानी सिलिकेट इंडस्ट्रिज, जयपूर, राजस्थान हे आसून उत्पादन उणाक दर्ज्याचे आशिल्ल्याचे तपासणेत सिध्द जाल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/747

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji